Panaji National

03 May 2026 6.30PM

## PM on Mission Drishti

गॅलेक्सी आयची 'मिशन दृष्टि' ही भारताच्या अंतरिक्ष प्रवासांतली एक व्हडली कामगिरी अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. संवसारांतलो पयलो ऑप्टोसार उपग्रह आनी भारताचो सगळयांत व्हडलो खाजगी उपग्रहाचें यशस्वीपणान प्रक्षेपण जावप हें तरणाट्यांच्या नवनिर्माण आनी राष्ट्र निर्मितीच्या ध्यासाचें प्रतीक असा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सोशल मिडियाचेर पोस्टाचेर म्हटलां. तशेंच गॅलेक्सीआयच्या संस्थापकांक आनी पुराय पंगडाक परबीं दिल्या.

## Fire Safety Week

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय, सगळी राज्यां आनी केंद्रीय प्रदेश तशेंच संबंदीत केंद्रीय मंत्रालयां आनी खात्याच्या सहकार्यान फाल्यां सावन देशभरांत 'फायर सेफ्टी वीक' मनयतले. ह्या उपक्रमातल्यान देशभरांतल्या भलायकी सुविधांनी उज्याच्या धोक्यांचेर आळाबंदा हाडपाचें म्हत्व निर्माण करप हो मुखेल हेत असा. ह्या सरावावेळार वेगवेगळया वाठारांनी जागृताय मोहीम, क्षमता निर्माण करपाचे उपक्रम आनी उजो पालोवपी दळाच्या पुस्तिकांचो प्रसार या सयत वेगवेगळे उपक्रम घडोवन हाडटले.

## Election Counting

फाल्यां सकाळीं अस्तंत बंगाल, केरळ, तमिळनाडू, आसाम आनी पुडुचेरीन विधानसभा वेंचणुके खातीर मतांची मेजणी जातली. आसामांत विधानसभा वेंचणुके खातीर  मतमेजणीची सगली वेवस्था केल्या.  35 जिल्ह्यांतल्या 126 जाग्यांचेर मतांची मेजणी 40 केंद्रांचेर खर सुरक्षा खाला जातली. अस्तंत बंगालांत राज्यभरांतल्या 77 मतमेजणी केंद्रांनी बहुस्तरीय सुरक्षा वेवस्था केल्या अशें वेंचणूक अधिकाऱ्यांनी सांगलां, जाल्यार तमिळनाडूं आनी पुडुचेरींत जावपी विधानसभा वेंचणुके खातीर मतां मेजपाची सगळी वेवस्था केल्या, आनी सुरक्षा आनी देखरेखीची यंत्रणां तयार केल्यात.

## Delhi

राजधानी दिल्लींत उश्णताय ल्हारा सुरु असतात. हाका लागून सरकारी आनी खाजगी क्षेत्रांतल्या सगल्या कामगारांक दनपारां 1 ते 4 वरां मजगतीं विसव दिवचो अशें मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हांणी काळींत केलां. तांणी व्हिडियो संदेशांतल्यान दिल्ली सरकारान हे संबंदी पयलींच सुचोवण्यो जारी केल्यात अशी म्हायती दिली. तांणी फुडें दिल्ली येरादारी म्हामंडळाच्या बशींत तशेंच बस स्टॉपांचेर उदक आनी ओआरएस दवरप, हॉस्पिटलांनी वैजकी तयारी वाडोवप अशे कांय मुखेल उपाय जाहीर केल्यात.

## Iran-America

शांतताय करारांतल्यो अडचणी मोडपाच्या यत्नांत इराणान वॉशिंग्टनाकडेन प्रस्ताव मांडला. पूण मध्य उदेंतांतलो संघर्श सोंपवपा खातीर इराणाचो नवो प्रस्ताव वाचून आपूण समाधानी ना अशें अमेरिकेचो अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलां. इराणाक अणुशस्त्रां तयार करपापासून जो करार पुरायपणान आडयना अश्या खंयच्याच कबलातीचार अमेरिका स्वाक्षरी करची ना अशें तांणी स्पश्ट केलां.

## Announcement

आकाशवाणी पणजी केंद्राचा  खबरा विभागा वरवी  'वृत्तनिवेदकाच्या' पदाखातीर  कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.  अर्ज  करपाक निमणी तारीख 17 मे  २०२६ आसा . ह्या पदाखातीर कोंकणी भाशेचें  गिन्यान आसचें. इत्सूक उमेदवारांनी आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आर एन यू, आकाशवाणी पणजी,  आल्तिन्हो, पणजी , गोवा  हांगा सादर करचो.

## Weather

भारतीय  हवामान खात्यान आयज ईशान्य भारत, केरळ, माहे, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, तमिळनाडू आनी पुडुचेरी हांगा पावस पडपाचो अदमास उक्तायला, तशेच आयज जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, छत्तीसगड आनी आंध्र प्रदेशाच्या दर्यादेगेवेल्या वाठारांनी गडगड आनी वीज पडपाची शक्यताय आसा. आयज हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, बिहार, ओडिशा, केरळ, पंजाब आनी मध्य प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी हवामानाची परिस्थिती अशीच अस्पाची शक्यताय आसा.

मजगती, आंध्र प्रदेशांतल्या दर्यादेगेवेल्या कांय वाठारांनी आयज उश्णताय ल्हार येवपाचो अदमास असा,  जाल्यार भारतीय हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण तमिळनाडूंतल्या पुडुचेरी आनी कराईकलान फाल्यां मेरेन उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा.

## Sports

IPL क्रिकेट सर्तींत आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर गुजरात टायटन्स पंजाब किंग्स या संघाआड खेळटलो. सांजवेळा 7:30 वरांचेर हो खेळ सुरू जातलो. आतामेरेन या सरतींत पंजाब किंग्स पयल्या क्रमांकाचेर जाल्यार गुजरात टायटन्स पांचव्या क्रमांकाचेर आसा.